# गोंय विद्यापीठान एका प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 27 मार्च 2025

गोंय विद्यापीठान गोंय राज्य रिसर्च फांऊडेशन पुरस्कृत **"Development of hybrid 2D material plasmonic nanoparticle system for surface-enhanced Raman scattering and application to the detection of environmental pollutants"** ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका प्रकल्प सहाय्यक पदाखातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. निवड जाल्ल्या उमेदवारांक गोंय विद्यापीठात भौतिक शास्त्र आनी ततस्म शास्त्र विभागात एक वर्स संशोधन करचे पडटले. ( प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सा मेरेन वाडपाक शकता वा प्रकल्प पुराय जाय मेरेन, जो पयली आसा तो आसतलो).

उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत भौतिक शास्त्रात पद्व्युत्तर पदवी पात्रताय आसपाक जाय. NET/SET पात्रताय आशिल्ल्या उमेदवाराक प्राधान्य दितले. भौतिकशास्त्र, स्पेक्ट्रोस्कोपिक टेक्निक प्रयोग अणभव आनी ऑप्टिक गिन्यान आवश्यक आसा. म्हयन्याक 20,000/- रूपया मानधन दितले. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सा परस चड आसची न्हय.

इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज गोंय विद्यापीठात भौतिक शास्त्र आनी ततस्म शास्त्र विभागात 5 एप्रिल 2025 मेरेन सुपुर्द करचो. निवडक उमेदवारांची मुलाखत 16 एप्रिल 2025 दिसा जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/288

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.